**प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 ची राज्यांत अंमलबजावणी**

ता. 18 जानेवारी 2021

गोंय सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 2.0 ह्या केंद्र सरकार पुरस्कृत कुशळटाय विकास प्रशिक्षण येवजणेची राज्यांत यशस्वी पणान अंमलबजावणी करून 1532 उमेदवारांक प्रशिक्षण दिला. आता भारत सरकारान 15 जानेवारी 2021 दिसा प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 ही येवजण चालीक लायल्या. अल्प मुजत प्रशिक्षणा खातीर 257 आनी पुर्व प्रशिक्षण येवजणेखाला राज्याक 400 उमेदवारांची मोख दिल्या. गोंयांत दोनीय जिल्हयांनी जिल्हाधिकाऱ्याच्या अध्यक्षतेखालच्या जिल्हा कुशळटाय समितीवतीन येवजणेची अंमलबजावणी करपात येतली.

राज्यांतल्या सगळ्यां 10 सरकारी आयटीआय तशेंच स्किल इंडिया पोर्टला कडेन जोडिल्या खाजगी प्रशिक्षण संस्थांतल्यान प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 ही येवजण चालीक लायतले. उत्तर गोंयांत 20 जानेवारी 2021 दिसा सांजेच्या 3.00 वरांचेर जाल्यार दक्षीण गोंयांत 22 जानेवारी 2021 दिसा दनपारां 2.30 वरांचेर येवजणेचो शुभारंभ जातलो. येवजणेच्या शुभारंभ कार्यक्रमाक कुशळटाय विकास सचिव, जिल्हाधिकारी हजर रावतले. कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान राज्यांतल्या 15 ते 45 पिरायेच्या युवकांनी कुशळटाय विकास येवजणेचो फायदो घेवपाची विनंती केल्या.

चड म्हायती खातीर इत्सुक उमेदवारांनी लागीच्या सरकारी आयटीआय केंद्रांत संपर्क करचो वा www.dsde.goa.gov.in / www.pmkvyofficial.org वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/79

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji